Pm 40

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आनी फिलीपीन्सचे राष्ट्रध्यक्ष फर्डिनांद  आर मार्कोस जुनियर हांचे मदीं सध्या नवी दिल्लीच्या हैदराबाद हाऊसांत द्विपक्षीय उलोवणी सुरू आसात. भारत आनी फिलीपीन्स हांचे मदीं संस्कृताय, इतिहासीक आनी लोकां मदल्या संबंदांच्या बुन्यादीचेर आदारिल्ले लागींचे संबंद आसात अशें परराश्ट्र मंत्रालयान सांगलां. BYTE

सत्यपाल मलिक 20

गोंयचे तशेच जम्मू आणि काश्मीरचे आदले  राज्यपाल सत्यपाल मलिक आयज संवसाराक अंतरले. तांची पिराय 79 वरसा आशिल्ली.दिल्लीतल्या राम मनोहर लोहिया हॉस्पिटलांत ताणी निमणो श्वास घेतलो.

गोंवा 110

लोकसभेन आयज गोंय राज्य विधानसभा मतदारसंघांतल्या अनुसुचीत जमातींच्या प्रतिनिधीत्वाचे पुनरसमायोजन विधेयक, 2024 संमत केले.अनुसुचीत जमातीच्या सदस्यांच्या प्रभावी लोकशाही सहभागा खातीर सुवातीचे आरक्षण सक्षम करप आनी गोंय राज्य विधानसभेतल्या जाग्यांचें पुनरसमायोजन करपाची तजवीज करप हो विधेयकाचो हेत आसा. ह्या चर्चेक जाप दितना केंद्रीय कायदो आनी न्याय मंत्री अर्जुन राम मेघवाल हांणी सांगलें, कि अनुसुचीत जमातींक गोंय विधानसभेंत तांचें प्रतिनिधित्व सुनिश्चीत करपा खातीर आरक्षण दिवपाच्या हेतान हें विधेयक हाडलां. राज्यांतल्या अनुसुचीत जमातींची लोकसंख्या 2001 वर्सा पाचशे सासठ आशिल्ली ती एक लाख एकूण पन्नास  हजारां परस चड जाल्या अशें तांणी सांगलें. पयलीं फकत अनुसुचीत जातीं खातीर आरक्षणाची तजवीज आशिल्ली पूण अनुसुचीत जमाती समाजाची लोकसंख्या वाडत गेल्यान राज्य विधानसभेंत अनुसुचीत जमातींक आरक्षण दिवप गरजेचें आसा अशें मेघवाल हांणी सांगलें.

ढगफुटी 75

उत्तराखंडांतल्या उत्तरकाशी जिल्ह्यांतल्या धरली वाठारांत ढगफुटीक लागून व्हड प्रमाणांत लुकसाण जाल्ल्याची म्हायती मेळ्ळया. आपत्ती वेवस्थापन पंगड घडनुक

थळार  आदार आनी बचाव कार्यावळींत सक्रीयपणान गुतलयात. मुख्यमंत्री पुष्कर सिंग धामी हांणी हे घडणुकेचेर दुख्ख उक्तायलें. सोशल मिडियाचेर तांणी केल्ल्या पोस्टांत एस डी आर एफ, एन  डीआर एफ, जिल्लो प्रशासन आनी हेर संबंदीत पंगड झुजा पांवड्यार आदार दिवपा खातीर वावुरतात अशें तांणी सांगलें. तशेंच वरिश्ठ अधिकाऱ्यां कडेन तांचो सतत संपर्क आसा आनी परिस्थितीचेर बारीक नदर दवरतात अशें तांणी सांगलें. BYTE

मुरुगन 80

आधुनीक, समावेशक आनी कार्यक्षम माध्यम आनी मनरिजवणेची पर्यावरण यंत्रणा तयार करपाक राज्य आनी केंद्रीय प्रदेशांची मुखेल भुमिका आसा अशें म्हायती आनी प्रसारण राज्य मंत्री डॉ. एल. मुरुगन नवी दिल्लींत राज्य आनी केंद्रीय प्रदेशांच्या म्हायती आनी जनसंपर्क सचीवां वांगडा उक्तावण राष्ट्रीय परिशदेंत उलोवप करतना तांणी सांगलें. मनरिजवण क्षेत्राक सरकार व्हड प्राधान्य दिता आनी हे अर्थवेवस्थेक चालना दिवपा खातीर जायतीं पावलां उबारल्यांत अशें डॉ. एल. मुरुगन हानी सांगून प्रेस सेवा पोर्टल, इंडिया सिने हब, आंतरराष्ट्रीय चित्रपट महोत्सव, वेव्स बाजार, वेव समिट ह्या सारक्या पावलांनी ह्या दृश्टीकोनांत बदल घडोवन हाडला.

हवामान  60

आयज केरळ, उत्तराखंड आनी अस्तंत उत्तर प्रदेशात  घोग्यांनी पावस पडपाची शक्यताय आसा असो  अदमास भारतीय हवामान खात्यान उक्तायला. ह्या राज्यांनी रेड अलर्ट जारी केला अशे आकाशवाणी खबरा विभागा कडेन उलयतना भारतीय हवामान खात्याचे  वरिश्ठ शास्त्रज्ञ डॉ आर के जेनामनी हांणी सांगलें. तशेंच आयज माहे, तमिळनाडू पुडुचेरी आनी कराईकल ह्या वाठारांनीय व्हड प्रमाणांत पावस पडपाची शक्यताय आसा अशें तांणी मुखार  सांगलें.

बॉक्सिंग 50

भारताच्या बॉक्सिंग फेडरेशनान उत्तर प्रदेशांतल्या ग्रेटर नोयडा शारांत 7 ते 13 ऑगस्ट मेरेन जावपी चवथी सब-जूनियर 15 वरसा सकयलया  चले आनी चलयांच्या  राष्ट्रीय मुष्टियुध्द सर्तीचीं तारको जाहीर केल्यांत. या स्पर्धेत १३ ते १४ वयोगटात ४०० चले आणि ३०० चलया सयत ७०० परस चड  तरुण बॉक्सर सहभागी जातले , जे १५ वजन गटात स्पर्धा करतले .